**खांडेपार पुलाचे श्री. नितीन गडकरी हांचे हस्तूकीं उक्तावण जातले.**

ता. 23 नोव्हेंबर 2018
2 मार्गशीर्ष 1940

नवीन खांडेपार पुलाचे उक्तावण डिसेंबर म्हयन्यात जातले. केंद्रीयमंत्री श्री. नितीन गडकरी हांणी खांडेपार पुलाच्या उक्तावण कार्यक्रमाक हजर रावपाचे निमंत्रण स्वीकाला अशी माहिती भौशिक बांदकाममंत्री श्री. सुदीन ढवळीकर हांणी दिल्या. श्री. ढवळीकर नागपूर हांगा आयोजित केल्ल्या 79 व्या राज्य भौशिक मंत्र्याच्या परिशदेक हजर रावपाक गेल्ले त्यावेळार श्री. ढवळीकर हांणी केंद्रीय मंत्र्याक खांडेपार पुलाचे उक्तावण करपाचे निमंत्रण दिला. श्री. ढवळीकर हांणी केंद्रीय मंत्र्यामुखार गोंयच्या विकासाविशींचे हेर विंगड विंगड प्रस्तांवय मांडले.
मा/सप/जीपीपी/जॉआ/विगां/सुसुका/2018/1762